मतदार वळेरी विशेश उजळणी कार्यक्रम

ता. 6 नोव्हेंबर 2026

केंद्रीय वेंचणूक आयोगाच्या कार्यक्रमा प्रमाण 1 जानेवारी 2027 ही पात्र तारीख धरून देशांत मतदार वळेरी विशेश उजळणी मोहिम जातली. ह्या मोहिमे वरवीं सगळ्यां पात्र नागरिकांची मतदार म्हुण नोंदणी जातली आनी मतदार वळेरी अचूक आनी वेवस्थीत करतले.

विशेश मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रमा प्रमाण मसुदो मतदार वळेरी ता. 12 नोव्हेंबर 2026 दिसा प्रसिध्द करपात येतली. मतदार वळेरी विशीं कसलेय दावें वा आक्षेप आसल्यार ते ता. 12 नोव्हेंबर ते 11 डिसेंबर 2026 मेरेन स्विकारतले. दावे वा आक्षेप आसल्यार ते 28 डिसेंबर 2026 मेरेन निकालात काडटले. 4 जानेवारी 2027 दिसा अंतिम मतदार वळेरी प्रसिध्द जातली. विशेश मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रमा खातीर 28 आनी 29 नोव्हेंबर 2026 आनी 5 आनी 6 डिसेंबर 2026 दिसा विशेश मोहिम दीस आसतले.

ह्या विशेश मतदार वळेरी उजळणी मोहिमेच्या फांटभुंयेर कुशावती जिल्हो जिल्हाधिकारी आनी निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान लोकांक विशेश मतदार वळेरी उजळणी प्रक्रियेविशीं मजत करपा खातीर कुशावती जिल्ह्यातल्या चारय विधानसभा मतदारसंघाखातीर 24x7 हेल्प डेस्क सुरू केला. लोकांनी मजती खातीर सकयल्या हेल्पलायन नंबरांचेर संपर्क करचो- कुशावती जिल्हो-7756997787, 36-केपे आनी 37-कुडचडे-9588427336, 38-सावर्डे-9405223237, 39-सांगे-7822069067, 40-काणकोण-9420689894.

विशेश करून 1 जानेवारी 2027 दिसा पिरायेची 18 वर्सा पुराय जावपी युवा नागरिकांनी आनी जांणी आपले नाव मतदार वळेरींत आस्पाव करूंक ना, तांणी मुखार येवन आवश्यक अर्ज भरून आपले नाव मतदार वळेरींत आस्पावीत करून घेवचे. तशेंच मतदारांनी मतदार वळेरीतले आपले नाव तपासून कसलीय दुरूस्ती आसल्यार ती करून घेवची. 28 आनी 29 नोव्हेंबर 2026 आनी 5 आनी 6 डिसेंबर 2026 दिसा मतदार वळेरी उजळणी खातीर विशेश मोहिम दीस आसतले आनी लोकांनी आपल्या संबंदीत केंद्राचेर वचून मतदार वळेरींत नावनोंदणी करपाच्या संदीचो लाव घेवचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/720

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.